**Panaji National**
**14th May 2025 6.30pm**

**Cabinet – 105**

उत्तर प्रदेशांतल्या जेवर विमानतळा लागसार सेमीकंडक्टर युनिट स्थापन करपाक सरकारान मान्यताय दिल्या. एचसीएल आणि फॉक्सकॉनच्या संयुक्त उपक्रमान भारत सेमीकंडक्टर मिशन अंतर्गत हे युनिट स्थापन करतले अशे, म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना सांगलें. तांणी सांगलें, ह्या प्लांटाची रचना म्हयन्याक 20 हजार वेफरां खातीर केल्या आनी डिझायन आउटपुट क्षमता म्हयन्याक 3.6 कोटी युनिट आसा. जेवारांतल्या नव्या सेमीकंडक्टर युनिटांत 39 अब्ज रुपयांची गुंतवणूक जातली अशें तांणी सांगलें. पाच सेमीकंडक्टर युनिट्सचे निर्माण आदीच सुरु आसा आहे तांणी सांगले. 270 शिक्षणीक संस्थांनी आनी 70 स्टार्टअपांतले विद्यार्थी आनी उद्देजक नव्या उत्पादनांच्या विकासा खातीर संवसारीक पांवड्यावेल्या नवीनतम डिझायन तंत्रगिन्यानाचेर काम करतात अशें तांणी सांगलें.

**PREZ- FORCES CHIEF - 55**

प्रमुख रक्षा अध्यक्ष जनरल अनिल चौहान, सेना प्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदी, हवाई दल प्रमुख एअर चीफ मार्शल ए पी सिंग आणि नौदल प्रमुख ॲडमिरल दिनेश के त्रिपाठी हांणी आयज राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांची भेट घेतली आनी तांका ऑपरेशन सिंदूर विशीं म्हायती दिली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत राष्ट्रपतीणी सशस्त्र दळांच्या शौर्याची आनी समर्पणाची तोखणाय केली.

**CJI GAVAI-OATH - 65**

न्यायमूर्ती भूषण रामकृष्ण गवई हाणीआज भारताचे ५२ वे सरन्यायाधीश म्हणून सोपूत घेतलो. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आयज सकाळीं राष्ट्रपती भवनांत जाल्ल्या खाशेल्या सुवाळ्यांत न्यायमूर्ती गवई हांकां पदाचो सोपूत दिलो. न्यायमूर्ती बी. आर. गवई हाणी न्यायमूर्ती संजीव खन्ना हांची सुवात घेतली. ते काल निवृत्त जाले. उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, जायते केंद्रीय मंत्री, आनी सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश हे सुवाळ्याक हाजीर आशिल्ले.

**UPSC-CHAIRMAN - 65**

राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मु हाणी संघ लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष म्हणून डॉ अजय कुमार हांची नेमणूक केल्या. कार्मिक आणि प्रशिक्षण विभागाने जारी केलल्या आदेशाप्रमाण, डॉ. कुमार जेन्ना आयोगाच्या अध्यक्षपदाचो कार्यभार स्वीकारतले तेन्ना सावन तांचो कार्यकाळ सुरू जातलो. डॉ. कुमार हे केरळ केडरच्या १९८५ च्या बॅचचे निवृत्त भारतीय प्रशासकीय सेवेतले अधिकारी. हाचे आदीं तांणी ऑगस्ट 2019 ते ऑक्टोबर 2022 मेरेन संरक्षण सचीव म्हणून काम केल्लें.

**VP Jaipur - 90**

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर फाल्यां एका दिसाच्या भोंवडेर राजस्थानांतल्या जयपूर शारात वतले. ह्या वेळार आदले उपराष्ट्रपतीच्या पुण्यतिथी निमतान थंयच्या भैरों सिंग शेखावत स्मारक ग्रंथालयाचें उक्तावण ते करतले. उक्तावण सुवाळ्याक लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, केंद्रीय पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत, राजस्थानाचे मुख्यमंत्री भजनलाल शर्मा, खासदार मदन राठौर आनी हेर खाशेले सोयरेय हाजीर आसतले. भैरोंसिंग शेखावत हे ऑगस्ट २००२ ते जुलै २००७ पर्यंत भारताचे ११ वे उपराष्ट्रपती आणि राज्यसभेचे पदसिद्ध अध्यक्ष आशिल्ले. १९५२ वर्सा तांणी राजस्थान विधानसभेचे वांगडी म्हणून राजकीय प्रवासाची सुरवात केली आनी ते तीन फावट राजस्थान राज्याचे मुख्यमंत्री आशिल्ले.

**X banned - 65**

भारतान ग्लोबल टाइम्स,शिन्हुआ न्यूज एजन्सी आणि TRT World चे एक्स अकाउंट देशांत ब्लॉक केल्यात. सुत्रांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण  पाकिस्ताना खातीर फाल्स प्रचार केल्ल्याच्या आरोपाखाला ताचेर ही कारवाय केल्या. ग्लोबल टाईम्स हो एक इंग्लिश भाषेतलो टॅब्लॉइड जो चिनी कम्युनिस्ट पक्षाच्या मालकीच्या पीपल्स डेली अंतर्गत चलता. शिन्हुआ न्यूज एजन्सी ही पीपल्स रिपब्लिक ऑफ चायनाची अधिकृत राज्य वृत्तसंस्था म्हणून काम करता, जाल्यार टीआरटी वर्ल्ड हे तुर्कीचे भौशीक सेवा प्रसारक.